**प्रादेशिक खबरो**

**03.04.2025 @ 7.25 am**

कोमुनिदादींचें कामकाज सुरळीत चलोवपा खातीर पुराय वेळ प्रशासका सयत हेर कर्मचाऱ्यांची भरती बेगीनूच जातली. कोमुनिदादींचें संगणकीकरण करपाची प्रक्रीयाय बेगीनूच सुरू जातली अशी म्हायती मुखेलमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी दिली. ताणी मंत्रालयांत कोमुनिदाद समितीचे अध्यक्ष तशेंच हेर वांगड्यां कडेन वेगवेगळ्या विशयांचेर चर्चा केली. शिवोलीची आमदार दिलायला लोबो हणीय आपल्यो समस्या मांडलयो . संगणक, प्रिंटर तशेंच हेर गरजेचें समान उपलब्ध करतले. कॉम्प्युटर ऑपरेटरची नेमणूक करतले. कोमुनिदादींचे कामकाज सुरळीत चलोवपा खातीर संगणकीकरण जावपाची गरज आसा. हाका लागून कागदपत्रां आनी हेर तपशील सुरक्षीत दवरप शक्य जातलें अशें मुखेलमंत्री डॉ. सावंत हांणी बसके उपरांत सांगलें.

लोकसभेन वक्फ (दुरुस्ती) विधेयक, 2025 संमत केle.288 वांगड्यांनी विधेयकाच्या वटेन आनी 232 वांगड्यांनी विधेयकाच्या विरोधांत मतदान केलें. तशेंच मुसलमान वक्फ कायदो, 1923 रद्द करपी मुस्लिम वक्फ (रद्द करप) विधेयक, 2024 हांकां सभाघरान मान्यताय दिली.हाचे आदीं संयुक्त संसदीय समितीन सादर केल्ल्या अहवाला प्रमाण लोकसभेन वक्फ (दुरुस्ती) विधेयक, 2025 विशीं चर्चा केल्ली. कैंद्रीय अल्पसंख्यांक वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजून काल दनपारां लोकसभेंत हें विधेयक मांडलें. विधेयक मांडटना मंत्र्यान सांगलें, ह्या विधेयकाचो मुसलमानांच्या धर्मीक प्रथे कडेन कांयच संबंद ना आनी तातूंत फकत वक्फ मंडळांच्या मालमत्तेचोच संबंद आसा. वक्फ मंडळांक समावेशक आनी धर्मनिरपेक्ष करपाची सरकाराची इत्सा आसा अशें तांणी सांगलें. हो कायदो मशिदींच्या वेवस्थापनाक न्हय अशेंय तांणी सांगलें. मंत्र्यांनी या कायद्याक एक संभाव्य विधान म्हणले आनी कोणाचीय मालमत्ता जप्त करपाचो हेतू ना अशें सांगले byte

भारताचो कसोटी सलामीवीर यशस्वी जयस्वालान २०२५-२६ च्या देशांतर्गत हंगामा खातीर मुंबय सोडून गोयात वचपाचो निर्णय घेतल; बीसीसीआयचे सहसचिव रोहन गावसदेसाई हाणी हे विशी एका खासगी खबरा चित्र वाहीनीकडे उलतताना सांगले की गोवा क्रिकेट खातीर हो एक महत्त्वाचो टप्पो आसा.

लोकविश्वास प्रतिष्ठान संचालित खासा व्यक्ती निवासी प्रकल्प आणि गोविंद पै रायतूरकर खासा भुरग्यांची शाळा हाचो लोकार्पण सुवाळा सिध्दस्वामी मठाकडे ग्रीन व्हॅली, शिरवई, केपेंत श्री गोकर्ण पर्तगाळी मठाचे स्वामीजी परमपूज्य श्रीमद् विद्याधीश तीर्थ श्रीपाद वडेर स्वामीजींच्या प्रत्यक्ष आशीर्वादान आणि भारतीय अणु कार्यक्रमातले नामनेचे शास्त्रज्ञ पद्मविभूषण गोयचे डॉ. अनिल काकोडकर हांच्या हस्तुकी केलो. दिव्यांग शिक्षण, प्रशिक्षण, कल्याण या क्षेत्रातली अग्रगण्य सेवाभावी संस्था म्हणून लोकविश्वास प्रतिष्ठान गेली पाच दसका गोयात कार्यरत आसा. समाजाची आत्यंतिक गरज थारील्या दिव्यांग निवासी प्रकल्पाचे लोकार्पण जाले तशेच खासा शाळेचे गोविंद पै रायतूरकर खासा भुरग्यांची शाळा अशे नामकरण जाले. गोविंद पै रायतूरकर चॅरिटीज ट्रस्ट, कार्यकारी विश्वस्त संजय रायतूरकर - ,-लोकविश्वास प्रतिष्ठानाचे अध्यक्ष अनुप प्रियोळकर लोकविश्वास प्रतिष्ठान, सचिव सविता देसाई - -आणि हेर मानेस्तांची उपस्थिती आशिल्ली.कार्यक्रमाची सुरवात श्री गोकर्ण पर्तगाळी मठाचे स्वामीजी परमपूज्य श्रीमद् विद्याधीश तीर्थ श्रीपाद वडेर स्वामीजींच्या हस्तुकी जाले.श्री स्वामीजी हस्तुकी पद्मविभूषण आनी गोमंतभूषण डॉ. अनिल काकोडकर हांचो सत्कार केलो. डॉ. अनिल काकोडकर हाणी आपले विचार मांडले . परमपूज्य श्रीमद् विद्याधीश तीर्थ श्रीपाद वडेर स्वामीजीनी सगळ्यांक ना मार्गदर्शन केले .

हवामान खात्यान केल्या अंदाजा प्रमाण गोयात पावसाक सुरुवात जाल्या.हवामान खात्यान आज पासून 3 दिस वादळी पावसाचो यलो अलर्ट जारी केलो राती उत्तर पेडणे तालुक्यातल्या मोरजी बागवाडा हांगा नेटान पावसाक

सुरूवात जाली. काल राती हेर सुवातीनिय पावस पडलो  अवकाळी पावसान आंबो आणि काजूचे पिक धोक्यात येवपाची शक्यता आसा.

6 तारखेक जावपी भाजपाच्या  स्थापणूक दिसा निमतान वेगवेगळयो कार्यावळी जाहीर केल्यात. हाका लागून आयोजित केल्या मुखेल कार्यकर्त्यांच्या मेळाव्यात मंत्री आनी आमदारांनी मार्गदर्शन केले  भाजपा प्रदेशध्यक्ष दामू नायक, भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे, उदका संसाधन मंत्री सुभाष शिरोडकर, महसूल मंत्री बाबूश मोनसेरात , कृशी मंत्री रवी नायक, समाज कल्याण मंत्री सुभाष फाल्देसाय, कला आनी संस्कृती मंत्री गोविंद गावडे हजर आशीलले.